# हाऊसिंग फायनान्स फेडरेशनावतीन सरकाराक लाभांश धनादेश

ता.27 मार्च 2018
6 चैत्र 1940

गोंय राज्य सहकारी गृह वित्त आनी फेडरेशनावतीन सरकारी भागभांडवलाचो परतावो म्हुण रू.10,99,760/- आनी रू. 8,28,500/- चो लाभांश धनादेश सहकार सचिव श्री. डब्ल्यू.व्ही.आर.मूर्ती हांचेकडेन सुपूर्द केलो. फेडरेशनाचे अध्यक्ष श्री. आर.के.पिकळे आनी हेर संचालक हयावेळार हजर आशिल्ले.

तशेंच फेडरेशनान भागधारकाखातीर 2016-17 वर्साखातीर 8 टक्के लाभांश जाहिर केला. फेडरेशनान सरकाराक आतामेरेन लाभांश म्हुण 3.82 कोटी रूपया फारीक केल्यात. सरकारान भाग भांडवल म्हुण 3.34 कोटीची गुंतवणूक केल्ली आनी तांतूतले 2.12 कोटी परत केल्यात. भागभांडवल आनी लाभांश मेळून आतामेरेन सरकाराक 5.94 कोटी रूपया पावल्यात.